## महिला उद्देजकता कार्यशाळेचें उक्तावण

## दसऱ्या सावन स्वयंपूर्ण ई-बाजार सुरू जातलो : मुख्यमंत्री

ता. 3 ऑक्टोबर 2023

कांय दिसांनी येवपी दसऱ्याच्या शुभ प्रसंगार स्वयंपूर्ण ई-बाजाराची सुरवात करपात येतली. स्वयंपूर्ण ई-बाजारा वरवीं बायलांक आपल्या हस्तकलेच्या वस्तूंसयत घरगुती उत्पादनां विकपाची संद उपलब्ध जातली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज दोनापावला हांगाच्या सीएसआयआर-नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफी (एनआयओ) च्या सभाघरांत नीती आयोगाच्या राज्य सहाय्यता अभियाना खाला महिला उद्देजकता मंचान गोंय सरकारच्या सहकार्यान आयोजीत महिला उद्देजकता विकास कार्यशाळेचें उक्तावण केल्या उपरांत उलयतालें.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, अशां उत्पादनांची विक्री न्हय फकत गोंयातच , जाल्यार भारतातल्या हेर कॉमन सर्व्हिस सेंटरालागी कबलात करून पुराय देशांत उत्पादनांची विक्री करतले.

महिला आरक्षण विधेयक मंजूर केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे अभिनंदन करून ह्या विधेयकाक लागून बायलांक लोकसभा आनी राज्यसभा वेंचणूकांनी 33 टक्के राखीवता मेळटली अशें सांगलें. आयज प्रत्येक क्षेत्रात महिलांचे फुडारपण आमकां पळोवक मेळटा, अशेंय तांणी म्हणलें.

प्रधानमंत्र्यांच्या विकसीत भारत 2047 व्हिजना वांगडाच गोंयचें डॉक्युमेंट @2047 पुर्ण करपा खातीर सरकार नीती आयोगाच्या सहकार्यान काम करपाक उत्सुक आशिल्ल्याचें सांगून मुख्यमंत्र्यान स्वयंपूर्ण गोंय मोहिम यशस्वी करपा खातीर महिलां उद्देजकांनी सरकाराक मदत करपाचो उलो मारलो.

कार्यशाळेचें मुखेल उलोवपी नीती आयोगाचे सीईओ श्री बी व्ही आर सुब्रह्मण्यम हांणी देशाच्या विकासात महिलांचो सहभाग म्हत्वाचो आसून महिलांच्या फुडारपाणाखालचो विकास केंद्रस्थानी आसा. 2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपाचो संकल्प प्रधानमंत्र्यानी केल्लो आसून हे उद्दिश्ट पुर्ण साध्य करपाखातीर आमकां खुप काम करचे पडटले, अशें सांगलें. सगळ्यां राज्यांनी व्हिजन डॉक्युमेंट तयार करपाची गरज आसून गोंय सरकारान लेगीत भौशीक, खाजगी क्षेत्र आनी उद्देजकांकडेन चर्चा करून गोंयाखातीर @2047 व्हिजन डॉक्युमेंट तयार करपाक सांगलें. महिला उद्देजकांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सरकारा कडल्यान जावपी प्रयत्नांचीय तांणी तोखणाय केली.

नीती आयोगाचे वांगडी डॉ व्ही के सारस्वत हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/767

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.